PANAJI

NATIONAL NEWS

01.08.2026 @ 6.30 PM

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मूनी 'भौशिक परीक्षा (अयोग्य मार्गांचो प्रतिबंध) सुधारणा विधेयक, २०२६' क मंजुरी दिल्या. हे विधेयक ब्रेस्तारा संसदेत मंजूर केले. कठोर ख्यास्तीची तरतूद आणि जलदगती न्यायालयांची स्थापना करून भौशिक परीक्षांमधल्या गैरप्रकारांक आळा घालप हो या कायद्याचो उद्देश आसा. तशेच, विद्यार्थ्यांचो फुडार सुरक्षित राखत, एक भक्कम कायदेशीर चौकट निर्माण करून परीक्षा प्रणालीमधली पारदर्शकता, आणि सचोटी अधिक बळकट करप हे याचे उद्दिष्ट आसा

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी आज आंध्र प्रदेशात विजयनगरम जिल्ह्यातल्या भोगपुरम हांगा 'ग्रीनफील्ड अल्लुरी सीताराम राजू आंतरराष्ट्रीय विमानतळाचे' उक्तावण केले. विमानतळाचेर आंध्र प्रदेशचे राज्यपाल एस. अब्दुल नझीर, मुख्यमंत्री एन. चंद्राबाबू नायडू आणि हेर मानेस्तांनी प्रधानमंत्र्याचे स्वागत केले. मोदीनी प्रवासी टर्मिनल इमारतीचे उक्तावण केले आणि या ग्रीनफील्ड विमानतळाची पळोवणी केली. त्यांनी विमानतळावेल्या प्रवाशांखातीर अत्याधुनिक सुविधांचो आढावो घेतलो तसेच विमानतळाची रचना, प्रगत तंत्रज्ञान, मास्टर प्लॅन आणि विमान येरादारी केंद्र म्हणून जावपी फुडारातलो  विस्तार यांबाबत अधिकाऱ्यांकडच्यान माहिती घेतली.

नव्या विमानतळाचें म्हत्व अधोरेखित करतना प्रधानमंतत्यान म्हले कि स्वातंत्र्य झुजारी अल्लूरी सीताराम राजूच्या नांवान तयार केल्लो हो विमानतळ, आदिवासी समाजाच्या हक्कां खातीर झुजतना आपल्या प्राणांचे बलिदान दिले त्याच  जमनीचेर उक्तावण करप ही अत्यंत अभिमानाची गजाल. आंध्र प्रदेश, खास करून उत्तर आंध्राच्या प्रगती आनी उदरगती खातीर हो विमानतळ म्हत्वाचो आधार जातलो आनी राज्यांतल्या तरणाट्यांक उज्वल  फुडार आनी चड संदी तयार करपा खातीर 'लॉन्चपॅड' म्हणूनय काम करतलो अशें तांणी सांगलें.

आंध्र प्रदेश आनी देशाच्या उदरगतींत देशांतल्या तरणाट्यांची प्रतिभा आनी तांक हाची चड म्हत्वाची भुमिका करपाक जाय अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. हें मतींत घेवन सरकारचे लक्ष सेमीकंडक्टरसारख्या तंत्रगिन्यानाचे उद्देग उबारपाचेर आसा अशें तांणी सांगलें.

विशाखापट्टणमांत नव्या अर्दवायू उत्पादन कारखान्याची बुन्याद घालप हें हया  दिशेन एक व्हड पावल आसा असो उल्लेख तांणी केला

उत्तर आंध्रच्या समृद्ध आदिवासी संस्कृतीचे दर्शन घडोवपी, १३,५०० परस चड आदिवासी बायलांनी सादर केल्ले पारंपरिक 'थिम्सा' नृत्यय ताणी  पळयले. उपरात ताणी  महत्त्वाच्या मुळाव्या सुविधा प्रकल्पांचे राष्ट्रार्पण, उक्तावण आणि बुन्याद घाली

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हैसूरांत ‘स्वामी विवेकानंद सांस्कृतीक युवा केंद्र - विवेक स्मरक’ चे उक्तावण केलें. १८९२ वर्सा स्वामी विवेकानंदाच्या म्हैसूर भेटीचे इतिहासीक घडणुकेचो उगडास ह्या स्मारकान जाता;

भारत आणि चीन आज सिक्कीमातल्या'नाथूला खिंडी'तल्यान  सीमावर्ती व्यापार परत सुरू करतले.या दोन शेजारी देशांमधल्या एका महत्त्वाच्या व्यापारी मार्गाचे पुनरुज्जीवन जातले. या व्यापाराक लागुन २०२० त कोविड-१९ महामारीक लागुन लादलेली स वर्षांची स्थगिती सोपतली.

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी आज पुण्यात आयोजित एका कार्यक्रमात राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजित डोवाल हांका 'लोकमान्य टिळक स्मारक राष्ट्रीय पुरस्कार' प्रदान केलो. आजचो दिस स्वातंत्र्यसैनिक लोकमान्य बाळ गंगाधर टिळकांची पुण्यतिथी आणि समाजसुधारक लोकशाहीर अण्णाभाऊ साठे यांची जयंती म्हणून मनयतात.

कॉमनवेल्थ गेम्स 2026’ सर्तींत बायलांच्या 54 किलो वजनाच्या विभागांत बॉक्सिंगांत पयलें भांगरा पदक जिखपा खातीर खेळगडे  प्रीती पवाराक केंद्रीय खेळां आनी युवा वेव्हार मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया हाणी  परबीं दिल्यां.

भारतीय हवामान विभागान आज पूर्व राजस्थान, मध्य महाराष्ट्र, दर्यादिग कर्नाटक, दक्षिण अंतर्गत कर्नाटक, कोकण, गोवा, केरळ आणि माहेत घोग्यांनी ते अती घोग्यांनी पावसाचो अंदाज दिला